प्रादेशिक खबरो १९.०८.२०२५ @ ७.20 pm

- चवथीच्या परबेच्या काळात नाल्लाचो उणाव जावचो न्ही म्हण कर्नाटकातल्यान नाल्ल आयात केल्यात अशे शेतकी मंत्री रवी नायक हांणी सांगला
- गोंयच्या सोबीतीकायचे दर्शन घडोवपाखातीर फोटोग्राफी करची अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.
- तात्पुरती स्थगीत केल्ली एअर इंडियाची गोवा-लंडन (गॅटविक) ही थेट विमान सेवा शिंयाळ्या वेळापत्रक 2025 त परतून सुरू जातली अशी म्हायती नागरी विमान मंत्री मुरलीधर मोहोल हांणी दिल्या.
- राज्यात नैऋत्य मान्सून नेटाचो आसा. चडशा सुवातानी मध्यम ते ऊटगाराचो पावस पडला

माडांक रोग लागिल्लयान नाल्लाच्य पिकावलीचेर परीणाम जाला, हाका लागुंन राज्यात अंदु नाल्लाचो आकडो उणो जाला अशे शेतकी मंत्री रवी नायक हांणी म्हणला. चवथीच्या परबेच्या काळात नाल्लाचो उणाव जावचो न्ही म्हण कर्नाटकातल्यान नाल्ल आयात केल्यात.हे नाल्ल फलोत्पादन म्हामंडळाच्यान सगळ्या गाड्याचेंर उपलब्ध आसतले. जाल्यार ४०- ४५ रुपयांक एक ह्या मोलात हे नाल्ल मेळटले. गोंयांत नाल्लाचो उणाव जावचो न्ही, काय जाण उणाव पळोवन नाल्ल बेटेच म्हारग विकतात, ताका लागुन असो प्रस्न उप्रासचो न्ही म्हण सराकरान नाल्ल भरपूर प्रमाणात उपलब्ध केला. चवथीच्या जेवणाक , नेवऱ्यो करपाक गोंयकारांक नाल्लाचो उणाव जावचो ना अशें मंत्री रवी नायक हांणी म्हणला. नाल्लाचे खोबरे तेल सामके बरे, ताका लागुन आताकाचे दुयेस बी जायना, गोंयकारांनी नाल्लचे तेल खांवचे अशे ताणे म्हणला. गोंय फलोत्पादन म्हामंडळाचे गोंयात सुमार 1250 इतले गाडे आसात. जाल्यार चवथीच्या परबेच्या

फाटभुयेंर फलोत्पादन म्हामंडळान 50 हजार नाल्ल शिमोगा कर्नाटकातल्यान आयात केल्यात. आनीक 50 हजार नाल्ल म्हामंडळ आयात करपाचे आसात.

इतले मजगती सध्या म्हामंडळाच्या ह्य गाड्याचेंर एका गिरायकाक कितले नाल्ल विकत घेवपाक मेळटले हाचे विंशी उमळशिक आसा आनी म्हामंडळान नाल्ल विकपाक दवरल्यात म्हण नाल्लाचो काळो बाजार जावचो ना म्हण गोंयकारांनी खोस उक्तायल्या. तशेच गोंयचे नाल्लाची पिकावळ परत जाग्यार हाडपाक नाल्ल पिकावलीचेंर सराकरान गर्भीयान विचार करचो अशी प्रतिक्रिया गोंयकांरांनी व्यक्त केल्या.

गोंयात आशिल्ली देवळा, चर्चीं, हेर धर्मिक थंळां, वन्य जीण, सैम. गोंयची सोबीतयाक फोटोच्या माध्यमातल्यान लोका मेरेन पावयात. फोटोग्राफी हे आयच्या काळातले प्रभावी माध्याम आसा, ताचो उपेग गोंयच्या सोबीतीकायचे दर्शन घडोवपाखातीर फोटोग्राफी करची अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.गोंय छायाचित्रकार पत्रकार संघटनेची 18 व्या वर्धापन दिसावेळार मुखेलमंत्री उलयताले . फोटो जर्नर्लिस्ट संघटनेक नवे कार्यलय दिवपाच्य नदरेतल्यान काम सुरु आसा अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

ह्यवेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, प्रियोळचे आमदार गोविंद गावडे, तशेचं संघटनेचे अध्यक्ष संदिप देसाय. सचिव नारायण पिर्सुर्लेकार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

गोंयची दांयज थळां फोटोग्राफ्रीच्या माध्यमातल्यान संसारा मुकार येवप महत्वाचे आसा. काळानुरुप कॅमेराचे तंत्र बदलला ताका लागुन नव्या अत्याधुनिक कॅमेराचो उपेग फोटोग्राफरांनी करचो. हे कॅमेरा घेवपाक सरकारान अशा फोटोग्राफरांक मजत करची अशे विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी म्हणला.

जाल्यार एक फोटो कितल्याश्याच महत्वाच्या क्षणाचो साक्षीदार आसता, पत्रकारीतेतली फोटोग्राफी जाल्यार समाजाक दिशादर्शक आसता अशें आमदार गविंद गावडे हांणी म्हणला. ह्यावेळार संघटनेच्या वर्धापन दिसाच्या फांटभुयेंर घेतिल्लया फोटोग्राफी सर्तीच्या जैतिवंताक मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी इनामा भेटोवपाची कार्यावळ जाली. कार्यावळीक राज्यभरातले सगळे ज्येष्ठ फोटोग्राफर तशेचं पत्रकार हाजीर आशिल्ले.

तात्पुरती स्थगीत केल्ली एअर इंडियाची गोवा-लंडन (गॅटविक) ही थेट विमान सेवा शिंयाळ्या वेळापत्रक 2025 त परतून सुरू जातली अशी म्हायती ही सेवा केन्ना मेरेन सुरु जातली कांय अशे राज्यसभेत खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी केल्या अतारांकीत प्रस्नाक जाप दितना नागरी विमान मंत्री मुरलीधर मोहोल हांणी दिल्या.

गोंयचे बरेचशे लोक लंडन, युके हांगा नोकरी करतात, तांचेखातीर गोंयातं येवपाक ही विमानसेवा महत्वाची आसा हो विशय लक्षात घेवन संबंधित स्थगित केल्ली एअरलायन सेवा सुरु करची अशी मागणी खासदार तानावडे हांणी लांवन धरील्ली. ह्या सेवेचो लाव विदयार्थी, लंडन- यु.के त काम करपी गोंयकारांक, तशेच वेवसायिकांक,तशेंच ज्येश्ठ नागरीकांक जातली अशे तानावडे हांणी म्हळा.

गुजरात अहमदाबाद हांगा १२ जुनाक विमान अपघात जाल्या उपरांत एअर इंडिया विमान सेवेन गोवा-लंडन (गॅटविक) ही थेट विमान सेवा कांय काळां खातीर स्थगित केल्ली.

'Metal- microbe interactions in deep-sea realms and its significance in elemental cycling ह्या विश्यावेल्या संशोधन प्रकल्पा खातीर कनिश्ट संशोधन फेलो (जेआरएफ) पदा खातीर पात्र उमेदवारांकद्च्यान अर्ज मागयलयात. नवी दिल्लीच्या पृथ्वी विज्ञान मंत्रालयान प्रायोजीत केल्ल्या गोवा विद्यापिठाच्या पृथ्वी, सागर आनी वातावरण विज्ञान शाळेंत दोन वर्सां संशोधन काळा खातीर हे पद आसा.

ह्या पदाची पात्रताय किमान ५५% गुणांसयत  एम.एससी. मरीन सायन्स/ मरीन मायक्रोबायोलॉजी/ बायोटेक्नॉलॉजी/ मायक्रोबायोलॉजी आणि संबंधित विज्ञान आसा बॅक्टेरियल कल्चर्स हाताळपाचो  अनुभव असलेल्या उमेदवारांना प्राधान्य दितले). फेलोशिप/मदतीची रक्कम प्रति म्हयणो  रु. ३७,०००/- अधिक ८% HRA आसा

इत्सूक उमेदवारांनी 4 सप्टेंबर 2025 दिसा दनपारां 2.30 वरांचेर वॉक-इन मुलाखती खातीर हाजीर रावूं येता. अर्जा वांगडा डॉ. एस. ओ. फर्नांडिस (प्राचार्य अन्वेषक), SEOAS हांका उद्देशून अर्ज आणि संबंधित प्रमाणपत्रा /मार्कशीटच्या स्व-साक्षांकित प्रती सादर करच्यो. उमेदवारांनी अर्जा वांगडा आपलें सीव्ही sheryl@unigoa.ac.in ह्या ईमेल पत्त्याचेर 1 सप्टेंबर 2025 दिसा वा ताचे आदीं धाडचें.

राज्यांतल्या वेगवेगळ्या जेटींचेर नितळसाण आनी  स्वच्छता ह्या प्रस्नाचेर उपाय काडपा खातीर फावो ती मुळावी बांदावळ दिवपाचो सरकाराचो हेतू आसा अशें नुस्तेमारी मंत्री नीलकंठ हळर्णकार हांणी परवरी हांगाच्या मलिम जेटीचेर नुस्तेमारी ट्रॉलरांचे जेटींच्या सुदारणा आनी बांदकामाचें उक्तावण करतना सांगलें. थळाव्या नुस्तेमारी समाजाच्या आदारान मलिम जेटीचेर सुविधा वाडोवपा खातीर सरकारान जायते म्हत्वाचे उपक्रम हातांत घेतल्यात. नितळसाणेचे नदरेन ह्या सुवातेर 13 आसनी शौचालय ब्लॉक पयलींच सुरू आसा आनी ताची देखरेख सुलभ इंटरनॅशनल कंपनी करता. ते भायर २० आसनी नवो टॉयलेट ब्लॉक बांदला. इतलेंच न्हय तर जेटीचेर उरिल्ल्या उदरगतीच्या कामां खातीर गोंय राज्य मुळावी बांदावळ उदरगत म्हामंडळान वर्क ऑर्डर जारी केल्या. जुलय 2026 मेरेन हीं कामां पुराय जावपाचीं आसात.ह्या नव्या सुविधेची देखरेख सुलभ इंटरनॅशनल कंपनी करतले. हळर्णकार हांणी फुडें सांगलें की मलिम जेटी ही एक म्हत्वाची जेटी जंय नुस्तेकार आपलें नुस्तेमारीचे काम करतात. GSIDCन  दिल्ल्या सहकार्याची तांणी तोखणाय केली, जाका लागून हो प्रकल्प शक्य जाला. उल्लेख केल्लो प्रकल्प तिगोवन दवरपाचें आवाहन तांणी संबंदीतांक केलें. पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हांणी म्हणलें कि ,

शौचालय सुविधा ही खूब आदीं सावन मागणी अशिली . नुस्तेमारी मंत्र्याच्या यत्नांची तांणी तोखणाय केली.

आमदार आनी GSIDC चे उपाध्यक्ष केदार नायक जिल्हा परिषद सदस्य कविता नाईक, आदले जिल्हा परिषद सदस्य गुप्ता नाईक, मत्स्यव्यवसाय सचिव. आयएएस प्रसन्न आचार्य, मत्स्यव्यवसाय संचालक डॉ. शर्मिला मोंतेरो, मांडवी फिशरमेन मार्केटिंग सोसायटीचे अध्यक्ष, मालिम जेट्टी फ्रान्सिस्को डी.सूझा, नियंत्रक सुलभ इंटरनॅशनल सुशील कुमार यांच्यासयत हेर मानेस्त उपस्थित अशील्ले.

पणजी पालिका म्हामंडळाच्या मर्यादे भितर दोन चाकी आनी चार चाकी वाहनां खातीर पे पार्किंगाची अधिसुचोवणी जिल्होधिकारी आनी उत्तर जिल्लो दंडाधिकाऱ्यांनी दिल्या. अधिसुचोवणी केल्लीं सुवातीमदी  सुलभ शौचालय लागसार/मीरामार हागच्या शारदा मंदिर शाळे मुखार आनी हॉटेल क्रेसेंट मुखार/मीरामार हागच्या हाय मास्ट लायटी खाला आसात. चार वरां मेरेनच्या दुचाकी वाहनां खातीर पार्किंग शुल्क 100 रुपया आसा. 4, चार वरां ते 12 वरां रु. ८ आनी १२ वरां आनी २४ वरां परस उण्या काळा खातीर रू. 15. एक वर मेरेन आसा. चार चाकी वाहनां खातीर पार्किंग एका वरा मेरेन शुल्क  २० रुपया आसा. आनी दर एका अतिरिक्त वराक रु. 15.

वाहनचालकांक दिल्ले पार्किंग स्लिप/पावतीत सीसीपीचो सीसीपीचे लेटर हेड आणि सीसीपीच्या जबाबदार, अधिकाऱ्याचो संपर्क क्रमांक आसपाक जाय, जाका लागून संबंदीतांक खंयचीय कागाळ करप शक्य जातले. तशेंच कसलीच कागाळी आसल्यार अशे  अधिकारी  त्यो सुटावे करतले. दिव्यांगा  खातीर अधिसुचीत केल्ल्या पार्किंगांत पार्किंग शुल्क घेवचे नात.

देहराडून उत्तराखंड हांगाच्या राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयांत इयत्ता 8 वीच्या वर्ग प्रवेशाखातीर मान्यताप्राप्त शिक्षण संस्थेत इयत्ता 7 वीच्या वर्गात शिकपी वा इयत्ता 7 वी उत्तीर्ण चलें आनी चली विद्यार्थ्यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. .

म्हायती पुस्तिका तशेच अर्ज राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयाच्या www.rimc.gov.in. ह्या वेबसायटीवयल्यान घेव येता

स्पोर्ट्स

राष्ट्रीय टेनिस बोल सर्तीत गोयच्या चले आणि चलयांनी धाव्या मिनी १४ वर्सा सकयल्या गटात विजयी सलामी दिली. दिल्लीतल्या कर्नेल सिंग स्टेडियमाचेर सोमरा सावन सरतिक सुरवात जाली. गोयान आसामाक ५४ धावडयांनी हाराय्ले.

YMCA वतीन घेतील्या प्रमुख मानाकन टेबल टेनिस सरतीत 11 वर्सा सकयल्या चल्याच्या एकोडी सरतीत निमण्या लढतीत अव्वल मानाकीत इशान कुलासो हाचे आड द्वितीय मानाकीत अशांक दळवी हाचे आव्हान आसतले. सरत कंपाल इनडोर स्टेडियमात सुरु आसा

हवामान

राज्यात नैऋत्य मान्सून नेटाचो आसा. चडशा सुवातानी मध्यम ते ऊटगाराचो पावस पडला .फाटल्या २४ वरात पावसाची नोंद ४६.8 मिली मीटर जाल्या.फुडले सात दिस मध्यम ते व्हड प्रमाणत पावसाचो अदमास वेधशाळेन दिला